# भारत वेंचणूक आयोग

निर्वाचन सदन, अशोका रोड, नवी दिल्ली 110001

No. ECI/PN/60/2020 तारीखः 21 सप्टेंबर 2020

**प्रसिद्धी पत्रक**

**कोवीड -19 च्या काळांत वेंचणूक घेतना आपले अणभव सांगपा खातीर पुराय संवसांरातली लोकशायी एकठांय आयल्यात.**

**कोवीड -19 च्या काळांत वेंचणूक घेतना 'मुद्दे, आव्हानां आनी शिश्टाचार' देशाचो अणभव सांगप' ह्या विशयाचेर ईसीआय आंतरराष्ट्रीय वॅबिनार आयोजीत करता.**

**ह्या सुवाळ्या वेळार दोन प्रकाशनांचें विमोचन जालें; वेंचणुकांचें अ-वॅब इंण्डिया जर्नल हाडपा खातीर इंण्डिया अ-वॅब सॅण्टर.**

**मुख्य वेंचणूक आयोग, कोवीड -19 महामारी मजगतीं बिहारांत जावपी वेंचणुकांच्या टप्प्यांचेर उजवाड घालताः राज्यांक भेट दिवपाक आयोग रोखडेंच निर्णय घेतलें.**

संवसारीक वेंचणूक संस्था (अ-वॅब) च्या असोसिएशनाच्या अध्यक्षपदाचें एक वर्स पुराय जाल्या उपरांत, भारत वेंचणूक आयोगान आयज आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार कोवीड-19 च्या मजगतीं वेंचणूक घेवपा खातीर "मुद्दे, आव्हानां आनी प्रोटोकॉल" अश्या विशयाचेर वॅबिनार

आयोजीत केल्लें. कोवीड-19 च्या मजगतीं वेंचणूक आयोजीत करपाचो अणभव वांटणी करूंक संवसारांतल्या लोकशायी कडेन एक संद आशिल्ली.

फाटल्या वर्सा 03 सप्टेंबर 2019 दिसा बंगळुराक जाल्ल्या अ-वॅबचे चवथे सभेच्या वेळार 2019-2021 कालावधींत अ-वॅबाचें अध्यक्षपद स्विकारिल्लें आनी वॅबिनाराच्या उक्तावण सुवाळयाक भारताचे भोवमानेस्त मुख्य वेंचणूक आयुक्त आनी चॅरपर्सन हाजीर आशिल्ले. अ-वॅब श्री. सुनील अरोरा हांणी भौशीक भलायकी आपत्कालीन परिस्थितींत थारायिल्ल्यो वेंचणुको कश्यो घेवच्यो हाचे विशीं संवसारांतल्या वेंचणूक वेवस्थापन संस्थां कडल्यान तयार जाल्ल्या “कठीण प्रसंगांच्या” विशीं उलयले.

दरेकी देशाची ह्या संदर्भांतली मांडावळ वेगळी आशिल्ली, दुयेंसाचो विस्तार आनी प्रमाण बदलतालें आनी तेच तरेन दरेकी देशाची नोवेल कोरोना वायरसाक फुडो करपाची तांक आनी भिरांकूळ प्रभाव बदलत वताले. तांच्यांनी खुबश्या देशांचीं नांवां उल्लेख केल्लीं जशीं, दक्षीण कोरिया, ऑस्ट्रेलिया, मलावी, तायवान, मोंगोलिया आनी जायते हेर देश आसात, जे वेंचणुको थारायल्ले प्रमाणें घेवंक फुडें सरले, जांणी वेचणुकेच्या आयोजना वांगडाच लोकांची भलायकी आनी सुरक्षा सांबाळपाक आवश्यक आशिल्ली व्हड वेवस्था दिवपाची खात्री केली, अशें ताणें फुडें सांगलें.

मोठे संख्येंतल्या मतदारांक, भुगोलीक आनी भाशीक विविधतायेचेर आनी वेगवेगळ्या हवामानाचे परिस्थितीक लागून भारतांतल्यो वेंचणुको व्हड आव्हानात्मक आसा अशें श्री. सुनील अरोरा हांणी नमूद केल्लें. बिहार विधानसभेच्या आगामी वेंचणुकांचें प्रमाण सविस्तरपणान सांगतना, एकूण मतदाराची संख्या 72.9 दशलक्ष आसा अशें तांणें सांगलें.

श्री. अरोरा हांणी कोवीड-19 चो वेंचणुकेचेर कसो परिणाम जाल्लो हांचें स्पश्टीकरण दितना, कोवीड 19 ची आपत्कालीन परिस्थिती आनी सोशल डिस्टन्सिंग उपायांचेर

ईसीआयच्या अस्तित्वांत आशिल्ल्या सुचोवण्यांची पुनर्रचना (revisit) कशीं आवश्यक आसा हें समजावन सांगलें. मतदान केंद्रां वयली कमीत कमी मतदारांची संख्या 1500 वयल्यान 1000 मेरेन केली आनी हांचो परिणाम, मतदान केंद्रांची संख्या 40 टक्के वाडोवन 65,000 वयल्यान 100000 मेरेन पावली. हातूंत खूब मोठ्या प्रमाणांत यंत्रणां आनी मनीसबळाची गुंतवणूक आसता. विद्यमान बिहारा विशीं फुडल्या दोन ते तीन दिसांनी आयोग निर्णय घेतलें, अशें सीईसीन उल्लेख केला.

भारत वेंचणूक आयोगान जेश्ठ नागरिकांक, बायलां खातीर सुविधा वाडोवप, दिव्यांग व्यक्ती आनी सद्याचे परिस्थितींत कोवीड पॉझिटिव्ह आनी क्वांरटायन जाल्ल्या लोकांचो मतदान अधिकार सुनिश्चित करप हांचेर खूब भर दिलो आसा, अशें मुख्य वेंचणूक आयोगान नमूद केलां. ह्या संदर्भांत, सीईसीन नोव्हेंबर-डिसेंबर 2019 त झारखण्ड विधानसभा वेंचणुको आनी फेब्रुवारी 2020 त दिल्ली विधानसभेच्यो वेंचणुको कश्यो सुरू जाल्ल्यो हांचोय उल्लेख केलो, 80 वर्सां पिराये परस चड आशिल्ली व्यक्ती, दिव्यांग व्यक्ती आनी विशिश्ट सेवांनी गुंतिल्ल्या अश्या मतदाराक टपाल मतदान (पोस्टल बॅलट) सुविधा दिली. टपाल मतदानाची क्षमता क्वांरटायन / हॉस्पिटलांत दाखल आशिल्ल्या कोवीड पॉझिटिव्ह मतदारां मेरेन विस्तारीत केल्या.

श्री. सुनिल अरोरा हांणी कोवीड महामारीच्या वेळार वेंचणूक आयोजीत करूंक विशेश आनी सविस्तर मार्गदर्शी सुचोवण्यो तयार करपाचो उल्लेख केला. राज्य सभेच्या 18 जाग्यां खातीर तशेंच जून 2020 म्हयन्यांत वेंचणूक येशस्वी रितीन आयोजीत केल्ल्याचो उल्लेख तांणी केला. 2021 वर्सां पश्चिम बंगाल,आसाम, केरळ, पॉण्डिचरी (पुड्डुचरी) आनी तामिळनाडूंत वर्साच्या पयल्या स म्हयन्यांत ह्या राज्यांनी वेंचणूक जावची आसा असो ताणें उल्लेख केला.

सप्टेंबर 2019 त बंगळुरांत घेतिल्ली सर्वसादारण विधानसभा एडब्ल्यूईबीक (AWEB) सीईसीन परत उल्लेखीत केल्या. भारत- एक वॅब केंद्र हाच्या खाला आयज वबिनार (Webinar)

आयोजीत केलां अशें ताणें नोंद केलां.  एडब्ल्यूईबी(AWEB) अध्यक्ष म्हूण ईसीआयची मुजत एक वर्स पुराय जाल्ल्या निमतान एडब्ल्यूईबी (AWEB) केंद्रांत हो सुवाळो आयोजीत केल्लो.

“Brief profiles of the countries member EMBs and Partner Organizations of A-WEB’ and Covid-19 and International Election Experience” ह्या आयज प्रकाशीत जाल्ल्या दोन प्रकाशनांचो उल्लेख करतना, ह्या दोगांचोय संशोधकांक तशेंच प्रॅक्टिशनर्सांक एक म्हत्वपूर्ण साधन थारतलें अशें ताणें फुडें सांगलें. अ-वॅब इंडिया सॅण्टरान “AWEB Journal of Elections” नांवाचो संवसारीक स्तरा वयलो जोर्नाल प्रकाशीत करपा सारको विकास केला. ह्या जोर्नालाची पयली आवृत्ती मार्च 2021 त लोकार्पीत जातली.

संवसार भरांतल्या 45 देशांतल्या सुमार 120 प्रतिनिधींनी (म्हणजें अंगोला, अर्जेन्टिना, ऑस्ट्रेलिया, बांगलादेश, भुतान, बोस्निया आनी हर्झोगोविनिया, बोत्सवाना, ब्राझील, कम्बोडिया, कॅमेरून, कोलंबिया, रिपब्लिक ऑफ कोंगो, डोमिनिका, एॅल साल्वादोर, इथोपिया, फिजी, जॉर्जिया, इंडोनेशिया, जॉर्डन, कझाकिस्थान, कोरियन रिपब्लिक,किर्गिस्थान रिपब्लिक, लिबेरिया, मालवी, मालदीव, मालडोवा, मंगोलिया, मोझांबीक, नायजेरिया, पॅलॅस्टीन, फिलिपिन्स, रोमानिया, रशिया, साओ टोमे आनी प्रिन्सीपे, सोलोमन आयलण्ड, सिएरा लिओन, दक्षीण आफ्रिका, श्रीलंका, सुरिनाम, स्विडन, तायवान, टोंगा, तुर्की, उझबेगिस्थान आनी झांबिया आनी 4 आंतरराष्ट्रीय संघटणा म्हणल्यार इंटरनॅशनल आयडिया, इंटरनॅशनल फावण्डेशन ऑफ इलॅक्टोरल फावण्डेशन ऑफ इलॅक्टोरल सिस्टम (आयएॅफइएॅस), असोसिएशन ऑफ वर्ल्ड इलॅक्शन बॉडीज (ए-वॅब) आनी युरोप सेंटर फॉर इलॅक्ट्रॉनीक ह्या वॅबिनारांत वांटेकार जाल्ले. संवसारांत असोसिएशन ऑफ वर्ल्ड इलॅक्शन बॉडीज (ए-वॅब) ही इलॅक्शन मॅनेजमेंट बॉडीज (इएॅमबीएॅस) तली सगळयांत व्हडली संस्था आसा. सद्या ह्या वॅबाचेर 115 इएॅमबी वांगडी म्हूण आसात आनी 16 स्थानीक संस्था/ संघटणा सहयोगी वांगडी आसात. 2011-12 सावन ए- वॅबाचे निर्मिती प्रक्रियेंत भारत वेंचणूक आयोगा कडेन लागींचे संबंद आसात.

पवन दिवान
अवर सचीव